# <u>गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाची तयारी नेटान</u>

ता. 13 डिसेंबर 2022

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो ता. 19 डिसेंबर 2022 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळयात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाक सभापती, मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी पक्षनेते, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.

महसूलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, मुख्य सचीव आनी पुलीस म्हासंचालक मुख्यमंत्र्यांक सुवाळयाच्या थळार येवकार दितले.

राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात शाळांची भुरगीं सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करतली.

तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात भौशीक बांदकाममंत्री श्री. निलेश काब्राल राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या मुक्ती दीस सुवाळयात म्हापशें हांगा पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, काणकोणा वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकर, पेडणे हांगा नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, वाळपय आमदार श्रीमती देविया राणे, सांगे समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, केपे हांगा खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे, दिवचल आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट, धारबांदोडे उदकास्त्रोतमंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर तिरंगो बावटो हुबयतले.

गोंय मुक्ती दिसानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, पर्वरीचे नवीन सचिवालय, लेखा संचालनालय इमारतीचेर रोशणाय करतले. .

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/778

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji